**नवी दिल्लीत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात गोंयच्या दालनाचे उक्तावण**

ता. 14 नोव्हेंबर 2023

नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर आयज 42 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्याक सुरवात जाली. 14 ते 27 नोव्हेंबर 2023 मेरेन भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्याचे आयोजन आसतले. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांचे हस्तुकीं गोंयच्या दालनाचे उक्तावण जाले.

म्हायती अधिकारी श्री. ऑल्विन परेरा, म्हायती सहाय्यक सिध्देश सामंत, गोंय गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळाचे सदाशिव पंडीत, विशांत पिळर्णकर, गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे राजेंद्र तारी, शंकर नाईक आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्या "आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय" पुस्तीकेचे प्रकाशन जाले. "वसुदैव् कुटुंबकम् – वेपारा वरवीं संधटीत, व्होकल फॉर लोकल, लोकल टू ग्लोबल" अशी ह्या वर्साच्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्याची संकल्पाना आसा.

गोंयचे दालन सुमार 100 चौ. मी. जागेत उबारपात आयिल्लें आसून दालन गोंयची वास्तुकला आनी प्रगतीचे दर्शन घडयता. आंतरराष्ट्रीय मोपा विमानतळ, पर्यटन, गुंतवणूक सुविधा, उद्देग आनी हेर विकासाचे दर्शन गोंयच्या दालना वरवीं जाता.

वेपार मेळाव्याच्या काळात प्रगती मैदानाचेर गोंयच्या कलाकारांकडल्यान गोंयची लोककला आनी संस्कृतीचे प्रदर्शन धडोवपात येतले, तशेंच गोंय राज्यान केल्ली प्रगती, गोंयांत गुंतवणूकी खातीर उपलब्ध आशिल्ल्यो साधनसुविधां, पर्यटन, गोंयची खाणां-जेवणां, सरबराय, आनी हेर सुविधांचेर प्रदर्शन मांडपात येतले.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यासयत उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य खाते, पर्यटन खाते, हस्तकला, टॅक्सटायल आनी कॉयर, गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळ, उद्देगीक विकास म्हामंडळ आनी गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळ ह्या मेळाव्यात सहभागी जाला. तशेंच गोंयच्या हस्तकारांगिरांनी आपल्या उत्पादनाचे विक्री-प्रदर्शन मांडला.

गोंयच्या दालनाच्या उक्तावणा पयली केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग राज्यमंत्री श्रीमती अनुप्रिया पटेल हांचे हस्तुकीं आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्याचे उक्तावण जाले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/870

--

---------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.